गोंय लोक सेवा आयोग

ईडीसी हावस, ब्लॉक 'सी',1लो मजलो, दादा वैद्य रोड, पणजी, गोंय – 403001.

संकेतथळः http://gpsc.goa.gov.in

**जायरात क्रमांक . 2 वर्स 2025**

**14/02/2025 दिसा प्रकाशीत**

सकयल दिल्ल्यां पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात.

**सगळ्या पदां खातीर अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 28-02- 2025 आसा.**

ऑनलायन अर्ज करपा खातीर आयोगाचें संकेतथळ https://gpsc.goa.gov.in वा गोंय सरकारचें पोर्टल https://cbes.goa.gov.in. चेर पळोवचें.

ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारांनी आयोगाच्या संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्यो "सुचोवण्यो" जतनायेन वाचच्यो.

2. वेवसायीक महाविद्यालयां आनी भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार ह्या गट 'ए' पदां खातीर, कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारशीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

3. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवपाक पात्र आसतलेच अशें ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार, **"सुचोवण्यांत"** नमूद केल्ल्या प्रमाणें आयोग मुलाखतीक आपोवंक उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतले.

**टीप:1)** अर्ज योग्य रितीन भरल्या उपरांत, उमेदवारांनी सकयल दिल्ल्या प्रमाणें, अर्ज शुल्क भरचें पडटलें.

**ए) ऑनलायन**

- ऑनलायन फारीकणी करची.
- यशस्वी स्थिती दाखोवपी ई- पावती डावनलोड करची.

**बी) ऑफलायन**

- ई- चलन निर्माण करचें.

- गोंयांत आशिल्ल्या खंयच्याय एसबीआय फांट्यांत फकत निमाणे तारखेक वा ताचें आदीं रोख फारीकणी करची (ई- चलनाची वैधताय ई-चलन निर्माण जाल्या उपरांत सात दीस मेरेन आसतली)
- ह्या ई- चलनाचेर बँकेचो शिक्को गरजेचो आसा.
- अर्ज सादर करपाचे निमाणे तारखेक वा ताचे आदीं आयोगाच्या कार्यालयांत शिक्को मारिल्लें ई- चलन सादर करूंक जाय.

2) फारीकणी यशस्वी जाल्या उपरांतूच उमेदवारांक आपलो अर्ज डावलोड करूंक मेळटलो.

3) निमाणे तारखे उपरांत शुल्क फारीक केल्लो अर्ज रोखडोच न्हयकारतले आनी हे फारीकणीचो परतावो जावचो ना.

4) अर्जांत उमेदवाराचो ईमेल नामो आनी मोबायल क्रमांक चूकयनासतना दिवपाक जाय. आयोग उमेदवारांच्या अर्ज संबंदीत सगळे संपर्क ईमेल पत्त्याचेर/मोबायल क्रमांकांतल्यान धाडटलें. सगळ्या उमेदवारांक तांच्या अर्जा संबंदीत अद्यावत/ कळोवणी खातीर तांचे ईमेल/खातें/ मोबायल फोन/आयोगाचें संकेतथळ नेमान तपासपाचो सल्लो दितात.

**टिप: जायरातीचे अणकारींत आवृत्तींत इंग्लीश आवृत्ती परस खंयच्योय विसंगती दिसल्यो जाल्यार त्यो प्रामाणीत मानतलें.**

## I. <u>कार्मिक खातें</u>

**मामलतदार/जोड मामलतदार/दक्षताय अधिकारी (Mamlatdars/Jt.Mamlatdar/ Vigilance Officer)** ... 3 पदां (1 – अनुसुचीत जमाती खातीर आरक्षीत, 2 अनारक्षीत)

**3 पदांतलें एक पद दिव्यांगत्व आशिल्ले व्यक्ती खातीर आरक्षीत- (सेरेब्रल पाल्सी, कुश्टरोग पिडीत (लॅप्रोसी क्युअर्ड), गिड्डो (ड्वार्फीजम), ऍसीड हल्लो पिडीत आनी स्नायुच्या डिसट्रॉफी सयत लोकोमोटर)**

**वेतन श्रेणी:** मॅट्रिक्स टप्पो 7 प्रमाणें **पिराय-** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक-** (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान कायद्याची पदवी ii) स्थानीक महसूल कायदे, कायदो आनी सुवेवस्था सांबाळूंक शासकीय कायदे, नियोजन आनी विकास कामाचें गिन्यान आसूंक जाय. (iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक :–** मराठीचें गिन्यान.

## II. <u>तंत्रीक शिक्षण संचालनालय</u>

<u>गोंय कला महाविद्यालय GOA COLLEGE OF ART</u>

**प्राचार्य** (Principal) ..... 1 अनारक्षीत पद (दुसरे फावटी)

**वेतन श्रेणी:** मॅट्रिक्स टप्पो 14 प्रमाणें (रू. 37, 400 – 67,000 + ग्रेड पे 10,000 पूर्व-सुदारीत)

**पिराय-** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:**

**आवश्यक –** i) डॉक्टर ऑफ फिलॉसॉफी (पीएच.डी). ii) संबंदीत फांट्यांत पयले श्रेणीचे तत्सम वा एक तर बॅचलर वा मास्टर पदवीचे तत्सम. ii) पर्यवेक्षक / सह – पर्यवेक्षक म्हूण मार्गदर्शन केल्ल्यो उण्यांत उण्यो दोन येशस्वी पीएच.डी आनी विज्ञान उल्लेख निर्देशांक (एससीआय) जोर्नल/ विद्यापीठ अनुदान आयोग (युजीसी)/ ऑल इंडिया कावन्सील फॉर टॅक्निकल एज्युकेशन (एआयसीटीई) हांणी मान्य केल्ल्या जोर्नलांचे वळेरीची उण्यांत उणीं आठ संशोधन प्रकाशनां.

(iii) शिकोवप/संशोधन/वेवसायांत पंदरा वर्सांचो अणभव, जातूंतलीं उण्यांत उणीं 3 वर्सां प्राध्यापकाच्या स्तराचेर आसूंक जाय.

.

(iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक :–** मराठीचें गिन्यान.